व्हीपी गोंय भेट - 10५

गोंयचो राज्यपाल श्री. पी. एस.श्रीधरन पिल्लई आनी मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दाबोली विमानतळर भारताचे उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर आनी ताची घरकान्न डॉ. सुदेश धनखर हंका येवकार दिलो उप राष्ट्रपती जगदीप धनखर आयज सावन, तीन दिसांच्या गोंय भोंवडेर आसत . ह्या भेटी वेळार धनखर फाल्यां, मूरगांव बंदराक भेट दितले. थंय बंदराचे नवे प्रकल्प देशाक समर्पित करतले आनी बंदर

प्राधिकरणाच्या वरिश्ठ अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यां कडेन

संवाद सादतले. तशेंच उपराष्ट्रपती कोस्ट गार्डीच्या जहाजार भारतीय दर्यादेग राखणेच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन उलोवप करतले.आयतारा ते आयसीएआर-सेंट्रल कोस्टल एग्रीकल्चरल रिसर्चइन्स्टिटट्यूटांत भेट दितले आनी थंय ते प्राध्यापक वांगडीआनी शास्त्रज्ञां कडेन संवाद सादतले. उपरात ते राजभवनाक भेट दितले, थंय चरक आनी सुश्रुत हांच्या पुतल्याचे अनावरण करतले

पावसाच्या फुडल्या चार म्हयन्यात गोंयच्या मोन्सुन पर्यटनाकडे पर्यटकांक आर्कर्शित करपाखातीर आयज पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी पर्यटन मळवेल्या जाळवणदारांकडे खासा बसका घेवन विदेशी तशेंच देशी पर्यटकांक गोंयात मोन्सुनाक येवपाक कशे आर्कर्शित करप हाचेर चर्चा केली. ह्या बसकेके travel and tourism association of goa, airlines company, online travel accomodation agent, तशेंच पर्यटन मळावेल्या हेर जाळवणदारंचो आसपाव आसा.पर्यटकांखातीर खासा मोन्सुन पॅकेजीस तयार करपाचो निर्णय ह्यावेळार ह्या बसकेत जाला. ह्यावेळार जुलै म्हयन्यात रेस्टोरेंन्ट वीक मनवपाचो निर्णय जाला. हे शिवाय सांजाव, चिखलकालो तशेंच बोंदेरा ह्या गोंयच्या महोत्सवांक पर्यटनाच्या नदरेतल्यान आनी व्हड माची दिवन पावसातले हे आगळे वेगळे आर्कर्शण करपाचो निर्णय जाला. हे शिवाय गोवा मोन्सुनाचो खासा हॅशटॅग केम्पेन राबोवपाचो निर्णययय ह्यावेळार जाला अशी म्हायती टीटीएजीचे अद्यक्ष जॅक सुखीजा हांणी ह्यावेळार उलयतना दिल्या

१०० रश्मि

राज्यसभा खासदार श्री सदानंद शेत तनावाडे हांणी पर्वरी मंत्रालयात आयज खासदार निदीवरवी खंयची खंयची उदरगतीची कामा गोंयांत करु येता हांचो नियाल घेवपाक कासा बसका घेतली. खासदार निदीतल्यान उत्तर आनी दक्षीण गोयात मेळुन आतां मेरेन वट्ट 17 प्रकल्पांची कामा करु येता अशी म्हायती हयावेळार अधिकाऱ्यांनी खासदार सदानंद शेट तानावडे हांका दिली. हांतूंतले 4 प्रकल्प मंजूर जाल्यात आनी ह्या प्रकल्पाचे काम सुरु जाला. सुरु जाल्या ह्या कामामदी दोन शाळांक बसी दिवप , तशेंच एक हर्स व्हॅन, आनी शाळे खातीर तीन वर्ग बांदप हांचो आस्पाव आसा ह्या बसकेक मुखेल सचिव वी. केन्डावेलु, दक्षीण गोंयचे खासदार कॅप्टन विरीयेतो फर्नांडीस, उत्तर गोंय जिल्होधिकारी यशस्वीनी बी., दक्षीण गोंय जिल्होधिकारी इग्ना क्लीटस हाजीर आशिल्ली.

७०

केंद्रीय राज्यमंत्री डॉ जितेंद्र सिंग 22 मे 2025 दिसा वास्को-दा-गामाच्या नॅशनल सेंटर फॉर पोलर अँड ओशन रिसर्च म्हल्यर एनसीपीओआर) हांगा नव्यान बांदिल्ल्या, अत्याधुनीक प्रयोगशाळेच्या ध्रुवीय भवन आनी सागर भवन ह्या दोन सुविधांचें उक्तावण करतले.

भारत सरकाराच्या पृथ्वी विज्ञान मंत्रालयखाला एनसीपीओआर ही स्वायत्त संस्था अंदूं रुप्या महोत्सव मनयता. ध्रुवीय आनी दर्या संशोधनाची भारताची नोडल एजन्सी म्हूण एनसीपीओआर अंटार्क्टिका, आर्क्टिक, दक्षिण म्हासागर आनी हिमालयांत शास्त्रीय मोहीम घडोवन हाडपाक मुखेल भुमिका करता.

150

गोंय राज्य कर्मचारी भरती आयोगान सहाय्यक शिक्षक आनी पुलीस उपनिरिक्षक (पीएसआय) पदां खातीर अर्ज करपाची मुजत वाडयली. साहाय्यक शिक्षक पदां खातीर अर्ज करपाची मुदत १५ जुलय मेरेन वाडयली. पीएसआयच्या पदां खातीर अर्ज करपाची मुजत ३० मे मेरेन वाडयली. आनी प्रोग्रामर, तांत्रीक साहाय्यक ह्या हेर पदां खातीर २३ मे हीच अर्ज करपाची निमणी तारीख आसा. सहाय्यक शिक्षक, पुलीस उपनिरिक्षक, तंत्रीक सहाय्यक, प्रोग्रामर, लायब्ररीयन, तंत्रीक अधिकारी अशीं 398 पदां भरपा खातीर कर्मचारी भरती आयोगान 2 मे 2025 दिसा जायरात दिल्ली. इत्सुक उमेदवारां कडल्यान व्हड प्रमाणांत अर्ज येवपाक लागल्यात. जायरात जारी केल्ली तेन्ना सगल्या पदां खातीर अर्ज करपाची निमाणी तारीक 23 मे

2025 आशिल्ली. आतां सहाय्यक शिक्षक पदां खातीर अर्ज करपाची मुजत देड म्हयने वाडयल्या. पीएसआय पदां खातीर अर्ज करपाची मुजत सात दीस वाडयल्या. सहाय्यक शिक्षकांच्या 118 पदां वांगडाच चित्रकला शिक्षकांचीं 2 पदां आनी इंग्लीश शिक्षकांचीं 14 पदां भरपाचे आसात. चित्रकला शिक्षक आनी इंग्लीश शिक्षक ह्या पदांक ही वाडयल्ली मुजत लागू जायना.

१००

राज्य उच्च शिक्षण संचालनालयान प्रभावीपणान चालीक लायिल्लें शिक्षणीक पोर्टल 'समर्थ एक्स' आतां मुळाव्या आनी माध्यमीक शाळा शिक्षणीक संस्थां खातीर उक्तें केलां अशी म्हायती उच्च शिक्षण संचालनालयाचे प्रकल्प संचालक डॉ.महादेव गावस हांणी दिल्या. राज्यांतल्या मुळाव्या, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांच्या प्राचार्यां खातीर प्रशिक्षण कार्यशाळेची पयली फेरी पुराय जाल्या. समर्थ एक्स पोर्टला विशीं पुराय म्हायती ह्या कार्यशाळेंत दिल्या. ज्या शाळांच्या प्राचार्यांनी अजून हें संबंदीत प्रशिक्षण पुराय करूंक ना, त्या शाळांच्या प्राचार्यां खातीर २३ मे दिसा पणजेच्या थेम्पो कॉमर्स कॉलेजीच्या कॉन्फरन्स हॉलांत दीसभराचें प्रशिक्षण सत्र घडोवन हाडलां अशी म्हायती डॉ.महादेव गावस हांणी दिली. ह्या प्रशिक्षण सत्राचो लाव घेवन समर्थ एक्स शिक्षणीक पोर्टलाच्यो सुविधा जाणून घेवपाचें आवाहन तांणी केलां

गोंयांत आयज वारो , जोगला तशेचं गडगडाटासयत उट्टागरांच् यापावसान हाजेरी लायली. अचानक पडील्लया पावसाक लागुन आयज जनजीण विस्कळीत जाली. जाल्यार म्हापसा मार्केट, पणजे शार , म्हापसा गिरी रस्ते उदकापोंदा गेले. बऱ्याचस्या वाठारात आयज बरोच वेळ आय वीज पुरवण खंडीत जाली. काय वाठारांनी झाडा पडील्याच्यो घडणुको घडल्यात,जाल्यार यबऱ्याचश्या रस्त्याचेरं आयज येरादारीची कोंयडी पळोवपाक मेळ्ळी इतलेमजगती आयज पणजी वेधशाळेन हवामानाच्या अदमासाप्रमाण orange alert दिला.

वेधशाळेकडल्यान मेळिल्या म्हायतीप्रमाण पेडण्या सगळ्यात चड 161 मीली मीटर, जाल्यार पणजे उपरांत म्हापसा, 157 मीली मीटर, पणजी 81मीली मीटर, मुरगांव 75मीली मीटर, वाळपय 43मीली मीटर, सांगे 42मीली मीटर , केपे 40 मीली मीटर जाल्यार फोण्या 30 मीली मीटर पावस पडील्लयाची नोंद पणजी वेधशाळेकडे जाला. जाल्यार पावसांक लागुन सध्या वातावरणात शितळकाय आयिल्लयान गोंयकार सुकावल्यात. खास करुन

गोंयात आयिल्ले पर्यटक पावसाचो आनंद लुटटाना दिसतात. इतलेमजगती हुवार येवपी सुवातीनी वा उदक साचवी वाठारात लोकांनी वच्चे न्ही अशी शिटकावणी आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणेंन गोंयकारांक दिल्या

खनडेपारच्या मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेन 24 मे 2025 दिसा प्रियाल फार्म हाऊस, खांडेपार फोंडे हांगा बहुभाशीक महिला साहित्यीक मेळाव्याचे आयोजन केला. राज्यांत साहित्य आनी कला-भाली संस्कृतीक प्रोत्साहन दिवपा खातीर संस्थेवतीन दर वर्सा कार्यशाळा, परिसंवाद, सर्ती सारखे कार्यक्रम आयोजीत घडोवन हाडटात.बहुभाशीक महिला साहित्यीक मेळाव्याचें उक्तावण 24 मे दिसा सकाळी 9.00 वरांचेर समाज सेविका श्रीमती सुलक्षणा सावंत हांचे हस्तुकीं जातले. साहित्याच्या मळार योगदान दिल्ल्यो महिला ह्या मेळाव्यात वाटो घेतल्यो. मेळाव्यात कविता लेखन, साहित्य लेखनाचेर चर्चा आनी मर्गदर्शन सत्रां जातलीं.समारोपाची कार्यावळ सांजेच्या 4.30 वरांचेर जातली. गोंयच्या महिला लेखकांनी ह्या बहुभाशीक महिला साहित्यीक मेळाव्यात सहभागी जावचे, अशी विनंती संस्थेन केल्या.

१२५

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान पणजे पाटोच्या संस्कृति भवनांत 26 मे ते 30 मे मजगति 10 ते 15 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यां खातीर " छायाचित्रण कला " ह्या विशयाचेर तंत्रीक तशेंच सृजनशील कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. कार्यशाळेचो वेळ सकाळीं 10.00 ते दनपारां 12.00 मेरेन आसतलो. कॅमेरे आनी मोबायल फोटोग्राफी वापरपाचें सैध्दांतिक आनी वेव्हारीक प्रशिक्षण दिवन फोटोग्राफीची वळख करून दिवपाचे संकल्पनेन ही कार्यशाळा घडोवन हाडटात. ही पांच दिसांची कार्यशाळा आसतली, जातूंत वेगवेगळ्या घटकांचेर विशयवार फोटोशूट करतले.नोंदणी प्रक्रिया 21 मे ते 26 मे 2025 मेरेन कार्यालयीन वेळार सुरू जातली. वांटो घेवपा खातीर 100 आनि नोंदणी फॉर्मा खातीर 10. रुपया शुल्क आकारतले. सहभागी लोकांची नोंदणी पयली येवपी पयली तत्वाचेर जातली. पाटो पणजीच्या संस्कृति भवनांतल्या कला आनी संस्कृती संचालनालयांत कार्यालयीन वेळार सहभागाचे फॉर्म मेळटात. चड म्हायती खातीर 08322404630/2404633/600 ह्या नंबराचेर संपर्क सादचो.